# उत्तर गोंयांत भरारी पंगडांची स्थापणूक

ता. 9 एप्रिल 2025

उत्तर गोंयांतल्या वाठारांनी बेकायदेशीर जमीन भराव, दोंगर कापणी आनी बेकायदेशीर बांदकामां आडावपा खातीर उत्तर गोंय जिल्होधिकाऱ्यान तालुका पांवड्याचेर भरारी पंगडांची स्थापणूक केल्या आनी संबंदीत मामलेदार, तलाठी आनी भरारी पंगडांक अशां बेकायदेशीर प्रकरणांची तपासणी करून कारवाय करपाचो आदेश दिला.

लोकांनी आपल्या वाठारांत जावपी बेकायदेशीर जमीन भराव,दोंगर कापणी आनी बेकायदेशीर बांदकामां विशीं फोन वा व्हॉटसप मेसेज (फोटोसयत 30 उतरां) धाडून तालुका पांवड्या वयल्या भरारी पंगडाक म्हायती दिवची. तिसवाडी- 9923023312, बार्देस- 8766022931, दिवचल- 9960852058 , सत्तरी- 8766047407, पेडणे- 9545008752 अशें भरारी पंगडांचे फोन नंबर आसा. तशेंच उत्तर गोंय जिल्हो नियंत्रण कक्षा कडेन 0832-2225383 आनी 100/112 ह्या हेल्पलायन नंबरा वयल्यान कागाळ करपाक शकतात.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/335

--

---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.